**<u>पर्यावरण मंत्र्याहस्तुकीं गोंय राज्य जैवविवीधताय संवर्धन पुरस्कार  भेटयतले</u>**

**<u>जैवविवीधताय संवर्धनाखातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचें- श्री. काब्राल</u>**

ता. 3 ऑगस्ट  2021

वीज आनी पर्यावरणमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांचे हस्तुकीं आयज गोंय राज्य जैवविवीधताय मंडळावतीन  जैवविवीधताय, जीवशास्त्र आनी पर्यावरण संवर्धन क्षेत्रांतल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर दिवपात येवपी (2021 वर्साचे) पुरस्कांर भेटयले. पुरस्कांर भेटोवपाचो कार्यक्रम आयज रविंद्र भवन, कुडचडे हांगा जालो.

कार्यक्रमात उलयताना श्री. काब्राल हांणी जैवविवीधतायेचे संवर्धन करपाखातीर प्रत्येकान आपल्या जीणेत कटीबद्द जावपाची गरज उक्तायली. पुरस्कार जैतवंतांचे अभिनंदन करतना तांणी जैवविवीधतायेच्या क्षेत्रात विवीध स्वरूपात दिल्ल्या योगदानाची तोखणाय केली.  साबार लोक जैवविवीधतायेच्या संवर्धनाखातीर विंगड विंगड माध्यमांतल्यान मोलाचे योगदान दितात आनी तांच्या योगदानाची दखल घेवपाची गरज आसा.  तशेंच प्रत्येकान जैवविवीधतायेचे संवर्धन करपाखातीर योगदान दिवपाक जाय.

जैवविवीधतायेचे संवर्धन करपाखातीर लोकांनी फुडें येवन सरकारी यंत्रणांक सहकार्य करपाक जाय. राज्यातली जैवविवीधताय राखून दवरपाखातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आसा. तशेंच थळाव्या पातळीचेर जैवविवीधताय म्हायीचे संकलन करून अशी म्हायती आपल्या फुडल्या पिळगेखातीर  जतन करपाची गरज आसा. विशिश्ट क्षेत्राच्या जैवविवीधतायेचे संवर्धन महत्वाचे आसून ते आमीच करपाक जाय आनी गोंयची सैमीक सोबीतकाय राखून दवरपाखातीर ते म्हत्वाचे आसा, अशेंय श्री. काब्राल हांणी म्हणले.

पर्यावरण सचीव श्री. कुणाल हांणी पुरस्कार जैतवंतांचे अभिनंदन करून जैवविवीधतायेचो सांबाळ,  पर्यावरणाची राखण,  बचत, मुल्ल्यवान संसाधना आनी राज्यांतली जैवविवीधताय  समृद्ध करपाखातीरक उत्कृश्ट काम करतात, अशें म्हणले.  निसर्गान आमकां जे कित्ये  दिला ताचो आमी सांबाळ करपाक जाय.

विकासाची कामां करतना आमी सैमाचो समतोल राखपाक जाय. तशेंच परंपरा आनी आधुनिकतायेमदीय समतोल आसपाक जाय, अशेंय तांणी म्हणले.

शेल्डेचे जिल्हा पंचायत वांगडी श्री सिद्धार्थ गावस देसाय, कुडचडे-काकोडा नगरपालीकेच्यो नगरसेवक श्रीमती जास्मिन ब्रागांझा, पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्याचे संचालक श्री दशरथ रेडकर, कुडचडे रवींद्र भवनचे वांगडी सचीव श्री निलेश धायगोडकर आनी गोंय राज्य जैवविवीधताय मंडळाचे वांगडी श्री पराग रांगणेकर हे कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

गोंय राज्य जैवविवीधताय मंडळाचे वांगजी सचीव डॉ.प्रदीप सरमोकादम हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार श्री दशरथ रेडकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

ह्या वर्सा जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती गटात चार पुरस्कार दिले. उत्तर आनी दक्षीण गोंयाखातीर रु. 50,000/- चो प्रत्येकी एक पुरस्कार , वैयक्तिक गटात उत्तर आनी दक्षीण गोंयाखातीर रु. 25,000/- चो प्रत्येकी एक, जैवविवीधताय उमेदी गटात उत्तर आनी दक्षीण गोंयाखातीर रु. 15,000/-चो प्रत्येकी एक पुरस्कार, तशेंच जैवविवीधताय संशोधक गटात रु. 25,000/- चो एक पुरस्कार भेटयलो. ह्या खेरीज चार जैवविवीधताय वेवस्थापन समितीक प्रत्येकी रू.10,000/- चे आनी दोगा जाणांक प्रत्येकी रु. 5000/- चे खास इनाम भेटयले.

उत्कृश्ट जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती गटात उत्तर गोंयच्या सांताक्रूझ बीएमसी आनी दक्षीण गोंयच्या कुर्टी- खांडेपार बीएमसीक रू. 50,000/- चो पुरस्कार भेटयलो.

तोखणायेच्या वावराखातीर उत्तर गोंयच्या पेन्हा द फ्रान्स आनी मांद्रे बीएमसी आनी दक्षीण गोंयच्या सारजोरा बीएमसी आनी केळशी बीएमसीक प्रत्येकी रु. 10,000/- चे इनाम भेटयले. वैयक्तिक गटात श्री. संकेत नाईक (उत्तर गोंय) आनी नुवेच्या कार्मेल कॉलेज ऑफ आर्ट्स, सायन्स अँड कॉमर्सच्या जीवशास्त्राचे सहयोगी प्राध्यापक डॉ रमाकांत बोरकर (दक्षीण गोंय) हांका रु. 25,000/-) चो

पुरस्कार भेटयलो आनी वैयक्तीक गटात जैवविवीधताय वा पारंपारिक ज्ञानाच्या क्षेत्रातल्या योगदानाखातीर श्री. सुजीतकुमार मरियप्पा डोंगरे (उत्तर गोंय ) आनी श्री. दत्ताराम एस. जी बोरकर (दक्षिण गोंय) हांका पुरस्कार भेटयलो.

जैवविवीधताय उमेदी श्रेणीत -वन्यजीवांच्या प्रजातींच्या संरक्षणाखातीर (श्री. अमृतलाल सिंग, श्री. श्रीचरण देसाय हांका रु. 25,000/-) चो पुरस्कार भेटयलो

जैवविवीधताय संशोधक श्रेणीत गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालय आनी संशोधन केंद्र, शिरोडाचे प्रा. (डॉ.) संग्राम केशरी दास हांका वखदीं वनस्पतींची लागवड, प्रसार, मृदा संवर्धन, बाग विकास कार्याखातीर पुरस्कार भेटयलो. देण्यात

तशेंच जैवविवीधताय क्षेत्रातील्या योगदानाखातीर वेगवेगळ्या समीतींचे सचीव आनी वांगड्यांक प्रमाणपत्रांय भेटयली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/642

-

-

-

-

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji